# जुआंव आगुस्तीन फेर्नांडीसाच्या ‘कुणबी जाकी’ तियात्रातलें लोकतत्व

सिल्वेस्टर वाज


## सारांश

एकोणिसाव्या शेंकड्याच्या निमण्या दसकांत गोंयांतल्यान मुंबय पाविल्ल्या जागरा खातीरचो एक पर्याय म्हण इटालियन ऑपेरांतल्यान स्फुर्त घेवन भारतीय रंगमाचयेर जल्म घेतिल्लो ‘तियात्र’ हो एक वेगळो असो नाट्य प्रकार. पळोव्प्यांचें मनोरंजन करतानाच समाज प्रबोधन करपी ह्या नाट्यप्रकारांतल्यान समाजांतले प्रस्न, राजकीय परिस्थिती, कुटुंबीक जीण, धर्मीक तत्वगिन्यान, मनशाचे जिणेंतलीं सूख -- दुख्खां, आदी मुखेलपणान पडबिंबीत जावपा वांगडा तातुंतल्यान थळावी लोकजीण लेगीत पडबिंबीत जाता. तियात्राक एक साहित्यीक प्रकार म्हण मानून शिक्षणीक मळार आयज तियात्राचो वेगवेगळ्या आयामांतल्यान अभ्यास जावपाक लागला. हे नदरेंतल्यान तियात्रांनी चित्रीत आनी पडबिंबीत जावपी लोकजिणेंतल्या लोकमनाचो, लोकविचारांचो, लोकविश्वास, लोकधारणांचो खोलायेन अभ्यास जावन लोकजिणेच्या मुळांचो सोद घेवपाच्या उद्देशान तियात्र ह्या नाट्यप्रकाराचो अभ्यास लोकतत्वीय नदरेंतल्यान करप गरजेचें.

प्रस्तूत लेखांत जुआंव आगुस्तीन फेर्नांडीसाच्या ‘कुणबी जाकी’ ह्या विसाव्या शेंकडयाच्या मध्यार माचयेर आयिल्ल्या तियात्राचो लोकतत्वीय नदरेन अभ्यास करपाचो यत्न केला.


**सराभूत उतरां :** लोकतत्व, लोकमन, माची, लोकजीण, लोकसमूह


## Saranx

Ekunnisvea xenkddeachea nimnnea doskant Gõyantlean Mumboi pavil'lea zagra (zagor) khatircho ek poriay mhonn Italian operantlean sfurt gheun Bharoti rongmachier zolm ghetil'lo 'Tiatr' ho ek agllo-vegllo oso nattyo prokar. Pollovpianchem monoronjon kortanach somaz probodhon korpi hea nattyoprokarantlean somajantle prosn, rajki poristhiti, kuttumbik jinn, dhormik totvginean, mon'xachie jinnentlim sukh-dukham, adi mukhelponnan poddbimbit zavpa vangdda tatuntlean thollavi lokjinn legit poddbimbit zata.

Tiatrak ek sahityik prokar mhonn manun xikxonnik mollar aiz tiatracho vegvegllea ayamantlean obheas zavpak lagla. Hie nodrentlean tiatramni chitrit ani poddbimbit zavpi lokjinnentlea lokmonacho, lokvichearancho, lokvixvasacho; lokdharonnancho kholayen obheas zaun lokjinnechea mullancho sôd ghevpachea ud'dexan tiatr hea nattyoprokaracho obheas loktotvi-i nodrentlean korop gorjechem.

Prostut lekhant João Agostinho Fernandes-achea 'Kunnbi Jaki' hea visvea xenkddeachea modhear machier ail'lea tiatracho loktotviy nodren obheas korpacho yotn kela.


**Biz utram:** Lokatatva, Lokmana, Machi, Lokjina, Lokasamuha

## Abstract

Tiatr is a unique form of theater that was born on the Indian stage inspired by Italian opera as an alternative to 'Zagor, which arrived in Mumbai from Goa in the late nineteenth century. While entertaining the audience, this form of theater mainly reflects the issues of society, political situation, family life, religious philosophy, happiness and sorrows of human life, etc. as well as local folklore. Considering theater as a literary genre, theater is being studied from different dimensions in the educational field today. From this perspective, it is necessary to study theater from a folk philosophical perspective in order to find the roots of folk life by deeply studying the folk minds, folk ideas, folk beliefs and folk beliefs depicted and reflected in plays.

The present article attempts to study Joao Agostinho Fernándes play 'Kunbi Jaki' from a folk philosophical perspective.

**Key Words:** Folk elements, Folk Mind, Stage, Folk life, Folk group

### विशयाची फाटभूंय

तियात्रीस्त जुआंव आगुस्तीन फेर्नांडीसाक तियात्राच्या मळार 'पाय तियातिस्त' म्हण वळखतात. आपले सुमार 50 वर्सांचे तियात्र माचयेवेले कारकिर्देंत ताणें 30 वयर तियात्र बरयले आनी कांय तियात्र छापुनूय हाडले. तांचे मदलो स्वतंत्र आनी छापून आयिल्लो एक तियात्र म्हणल्यार 'कुणबी जाकी'. सुरवेक हो तियात्र दोन वाट्यांनी माचयेर आयलो. पयलो वांटो 1941 मुंबय जाल्यार दुसरो वांटो 1946 वर्सा मडगांव शारात दाखयलो.

कुणबी हो गोंयचो आदीम वसणुकदार. कृशी संस्कृती कडेन संबंदीत आशिल्ली ही कश्टकरी जमात (अनुसुचीत जमातींत ह्या कुणबी समजाचो आसपाव जाल्ल्यान कुणबी समाज म्हणचे बदला जमात अशें हावें म्हणलां). पुर्तुगेज राजवटकेंत कुणबी जमातींतल्या लोकांचें मूळ हिंदू धर्मांतल्यान क्रिस्तांव धर्मांत धर्मांतरण जालें. धर्मांतरणा उपरांत तांकां 'क्रिस्तांव गावडे' म्हण वळखुवपाक लागले. ह्या गावडा जमातीचें मूळ कुणबी जमातींत आसा. त्याच क्रिस्तांव गावडो म्हण वळखुपी कुणबी जमातीच्या संघर्शाचे फाटभूंयेर 'कुणबी जाकी' हो तियात्र जुआंव आगुस्तीन फेर्नाडीसान बरयला. ह्या कुणबी समाजाचो संघर्श, शिक्षणाच्या प्रसाराक लागून तांच्या संघर्शमय जिणेंत आयिल्लो बदल हाचेर उजवाड घालतनाच ह्या समाजाचें ह्या मातये कडेन आशिल्लें नातें, ताच्या भितरलीं मनीस मुल्यां, तत्वां कित्याक तागून उरलीं हाचो सोद ह्या तियात्राचो लोकतत्वीय नदरेन अभ्यास करून घेवपाचो यत्न केला.

### 'कुणबी जाकी' तियात्राचें कथानक

'जाकी' हें ह्या तियात्रातलें मुखेल पात्र. जाकी शिकलेल्या, हिकमतीन भरिल्ल्या कुणबी जमातींतल्या तरणाट्यांचें प्रतिनिधित्व करता. तियात्रांत शिकिल्लो, सवरिल्लो जाकी सरकारी नोकरी मेळोवपाचो यत्न करता पूण प्रशासनातल्या भ्रश्टाचाराक लागून ताका ती मेळना. नाईलाजान ताचेर शेताचो वावर करपाची पाळी येता. जाकी शिकिल्लो आशिल्ल्यान ताचे कडेन कॉस्तांव आपले धुवे कडेन काजार

जावपाचो प्रस्ताव दवरता. नोकरी नाशिल्ल्यान जाकीक पयशांची अडचण आशिल्ली पूण मनीस रुपांतलो सैतान 'एरियस' ताका कांय अटी घालून ताची पयशाची अडचण पयस करता आनी ताका गिरेस्तूय करता. जाकीची गरज पुराय करून, ताका गिरेस्त करून, ताका आपलें शास्त्र मानपाक लावन आपलो गुलाम करपाचो एरियसाचो डाव आशिल्लो पूण आपली हिकमत, हुशारकायेच्या बळार ताका फसोवपाक विणलेल्या जाळ्यांत तो एरियसाकूच घुस्पायता. तेन्ना बदल्याच्या भावनेन घात घेवपाक राविल्ल्या एरियसाचोय यत्न जाकी कार्म सायबिणीच्या बळान निर्फळ करता.

कुणबी जमातीच्या संघर्शाची फाटभूंय आशिल्ल्या ह्या तियात्रांत कुणबी जमातीक उणाक, अशिक्षीत लेखून राजदरबारांत तिचेर चलयिल्लो अन्याय, भाटकारशायेंत तिची जाल्ली पिडणूक दिसता आसली तरीय ह्या सगल्या सांगाता लोकतत्वीय अभ्यास पद्दतीच्या आदारान ह्या लोकजमातीचे लोकजिणेंत, लोकमनांत आशिल्लीं खंयची लोकतत्वां 'कुणबी जाकी' तियात्रांत आयल्यांत आनी ह्या लोकतत्वांचो तियात्राचेर कसो परिणाम जाला हाचो सोद घेवपाचो ह्या अभ्यासाचो उद्देश आसा.

'लोकतत्व' ही साहित्याच्या अभ्यासाची एक पद्दत. जुआंव आगुस्तीन फेर्नांडीस हाणें बरयिल्ल्या 'कुणबी जाकी' तियात्राचो ह्याच लोकतत्वीय नदरेन अभ्यास करपाचो यत्न केला.

## लोकतत्वः संकल्पना आनी स्वरूप

लोकतत्व संकल्पनेंत एके खेरीत संस्कृतायेचें दर्शन घडोवपी लोकसमुहाक 'लोक' म्हणटात आनी लोकजिणेंत लोकमनान परंपरेन मानून घेतिल्ले नेम, मुल्यां हीं त्या लोकसमुहान आपणायलेलीं 'तत्वां' आसतात. लोकजिणेंत लोकमान्यतायेक पाविल्ल्या लोकमनांतल्या ह्या तत्वांक शास्त्रीय भाशेंत 'लोकतत्व' म्हणटात. वेव्हार, धर्म, मनीसमुल्यां, नैतीकता, आचारा कडेन संबंदीत हीं तत्वां आसतात. म्हत्वाचें म्हणल्यार हीं लोकतत्वां लोकमनाचे खोलायेंत रिगलेलीं आसतात. लोकजिणेंत परंपरेन चलणुकेंत आशिल्ले विचार, कल्पना, धारणा, भ्रम, समज, विधी, रिती -- रिवाज, भ्रम, श्रध्दा, विस्वास, परंपरा, लोकभास, आदींचो तातूंत आसपाव आसता.

## 'कुणबी जाकी' तियात्रांतलीं लोकतत्वां

'कुणबी जाकी' तियात्र लोकतत्वीय नदरेन अभ्यासताना तियात्रांत कुणबी जमातींत चलणुकेंत आशिल्ले लोकसमज, लोकमान्यतायो, लोकविस्वास, लोकधारणा दिसतात. वयर उल्लेख केला ते प्रमाण पुर्तुगेज राजवटकेंतल्या धर्मांतरणात क्रिस्तांव धर्म आपणायलेली आनी त्या धर्मशास्त्राक पाळो दिवन जियेल्ली ही कुणबी जमात. धर्मांतरणाक लागून नवो धर्म आपणायलो तरी आपल्या मूळ संस्कृती सावन ही जमात पुरायपणान पयस वचूंक पावूंक ना. म्हणल्यारूच आपल्या मुळांक ती विसरुंक पावूंक ना. आपल्या मूळ तत्वांचो तिका विसर पडूंक ना. तियात्राच्या सुरवातेकूच कॉस्तावांच्या उलोवपांतल्यान तें दिसता. आपणें विकतें घेतलेलें भाट पेसांवाचें अशें दिशिल्ल्यान आपूण तें दुसऱ्याक विकूंक सोदता म्हणपाचें तो इनासाक सांगता (पान 4). पेसांवाचें आसल्यार तें घेवप्याक बऱ्याक पडना असो लोकमनाचो समज आसा. "दुसऱ्याक नागोवन जोडिल्लेय दुडूय चड तेप घरांत उन्नाय" (पान 11) म्हणपाचो समज हो ह्याच लोकमनांतलोच. "नागोवन जोडलेले जुडू मायदेरांतल्यान धांवताय" (पान 11) अशें इनास आपल्या सांगात्यांलागीं उलयताना त्याच खातीर म्हणटा.

वाठाराचो राखणदार मानिल्ल्या देंवचाराचेरूय ह्या जमातीचो आशिल्लो विस्वास दिसता (पान 13). इंत्रुजा उपरांत पास्काचो काळ सुरू जाल्ल्यान इंत्रूजा आदल्या सुमाना मेरेन काजरां करपाची रीत ह्या जमातींत आशिल्ल्यान "इंत्रूज बगलेक पावत येयलां. येदो पासून कोणूय मेळ्ळो ना तुका ?" (पान 14) अशें हुस्क्यान भरून बोस्तेन आपल्या घरकाराक (कॉस्तांव) विचारता.

आदल्या काळार सोयरीकेन काजार जावपी आदल्या न्हवऱ्या -- व्हंकलेक एकामेका कडेन मेकळेपणान उलोवपाचीय मेकळीक नासली म्हणपाचें बोस्तेनाच्या आपल्या घराकारा कडेन जाल्ल्या उलोवपांतल्यान कळटा.

आमोरे वेळार रोजार करपाची रीत ह्या जमाती मदीं आसा. धर्मांतरणां उपरांत रोजार करपाची रीत ह्या जमातीन आपणायली आसपाक जाय. व्होरा सांगाता तांबडे सत्रे पोंदा घुमटां, म्हादाळ्यांच्या तालार कांतरां म्हणून नाचत व्होराक सांगात करपाचे ह्या जमातींतल्या काजारा वेळावयले रितीचोय उल्लेख तियात्रांत जाला (पान 32).

पयशांचे गरजेक लागून एरियसान घाल्ली अट जाकी मानून घेता पूण दिल्लें रीण वेळार फारीक करुंक ना जाल्यार आपूण तुज्या जिविताचो धनी जातलो अशें तो म्हणटा तेन्ना, जिविताचो धनी सर्गींचो देव, अशें जाकी एरियसाक म्हणटा. आपणें जाकीक दिल्ल्या आदाराच्या बदला जाकीक एरियस क्रिस्तांव धर्माचें शास्त्र सोडून दिवन आपलें शास्त्र मानपाची विनवणी करता (पान 30) तरीय जाकी आपल्या धर्मशास्त्राक फाट करिना. आपल्या तत्वां कडेन तडजोड करपाक तयार नाशिल्लें लोकमन हांगां दिसता.

तियात्रांत पियेदाद कार्म सायबिणीचें बेतीन गळ्यांत घालून भोंवता. एरियस ताका कार्म सायबिणीचें तें बेतीन काडून आपणें हाडलेली थिकाची सरपळी दिवन गळ्यांत घाल म्हणपाची विनंती करता, साबार तरांनी ताका भुलोवपाचो यत्न करता, जाकीक ताका फुसलावपाक लायता पूण पियेदाद ताचें सांगणें आयकून घेना (पान 34) वयल्यान गळ्यांत "बेतीन आसल्यार देंवचार बोगलेक येना तोतार कोरच्याक. तो भीत फूय सायबिणीच्या बेतिनाको (पान 37)" अशेंय तें जाकीक सांगता. ताचेर जाकीय विस्वास दवरता आनी कार्म सायबिणीचें "म्हाकाय एक आड गो बेतीन पादइगारा कडेन म्हुज्या गोमट्याकू घालच्याको (पान 37)" अशें तो पियेदादीलागीं मागता. शेवटाक एरियसाक मेळूंक वयताना जाकी तेंच कार्म सायबिणीचें बेतीन घालून वता.

खास करून तियात्राच्या शेवटाक जाकी एरियसाक मेळूंक गेल्लो आसतना एरियस रॉकालागीं फितुरी करून ताचो खून करपाचो कट आंखता. पूण कार्म सायबिणीच्या बेतीनाक लागून तो वाटावता अशें लेखकान तियात्रांत दाखयलां. जाल्यार दुसरे वटेन पियेदाद लेगीत आकांताच्या वेळार "सायबीण आमगेली पावल्या शिवाय रावचीना" (पान 44) म्हणपाचो विस्वास उक्तावन दाखयता. साबार फावटी पियेदाद "सायबिणी पाव ह्या वोगतारी" (पान 51) अशें भावार्तान सायबिणीक उलो मारता.

सर्ग आन्नी इफेर्नची संकल्पना, आत्म्याचें दुयेंस कुरार करपी कुमसारच्या साक्रामेंतवेलो विस्वास (पान 35) तशेंच सैतानाचे शिकवण वायट मानून तो ताळण्यात घालता म्हण मानपी (पान 35) ह्या क्रिस्ती धर्मशिकवणेक आनी तत्वगिन्यनाक मानपी ह्या जमातीचें लोकमनूय तियात्रांत दिसता.

तियात्रांत चित्रीत जाल्ल्यो कुणबी जमातींतल्यो चाली -- रिती, आपल्या धर्मीक शिकवणेक पाळो दिवप, कार्म सायबिणीवेलो भावार्त, परंपरांचें पालन, लोकसमजावेलो विस्वास हातुंतल्यान धर्मीक भावार्ता वांगडा शास्त्रांक, शिकवणेक पाळो दिवन जिवीत जियेवपी हें लोकमन हांगां दिसता.

## निश्कर्श

लोकतत्वांक लागून लोकजिणेंतल्या धर्मतत्वांचें, नितीतत्वांचें पालन जाता आनी लोकजिणेंत चलणुकेंत आशिल्ले विस्वास, धारणा, समज लोकमनांत जिवे उरतात. लोकतत्वीय नदरेन 'कुणबी जाकी' तियात्राचो विचार करताना परंपरेन चलत आयिल्ल्या आचारतत्वांक, धर्मतत्वांक, धर्मशिकवणेक, धर्मतत्वगिन्यानाक पाळो दिवन आपली लोकजीण जगपी ह्या जमातीतल्या लोकतत्वांक तियात्रांत देंवोवपाचो यत्न जुआंव आगुस्तीन फेर्नांडीसान केला. कुणबी जमातीचे लोकजिणेंत चलणुकेंत आशिल्लीं हीं लोकतत्वां कुणबी जाकी तियात्रांत सैमीकपणान आयिल्ल्यान तियात्रांतलें कथानक हे मातये कडेन आशिल्लो आपलो संबंद दाखयता, वाचप्यांक आनी पळोवप्यांक वास्तवीकताये कडेन लागीं व्हरता आनी तियात्र ह्याच मातयेचो आनी ताका हेच मातयेचो गंध आसा म्हणपाची अनुभुती दिता. वाचप्यांक आनी पळोवप्यांक हाचीच अनुभुती करून दिवपाचो यत्न बरोवप्यान ह्या तियात्रांतल्यान केला अशें म्हणपाक येता.

## संदर्भ

1. Cardoso, Felicio. (Sompadok). "Taitracho Jhelo (Kunabi Jaki)". Panaji: Goa Konkani Akademi. 1998.
2. फळदेसाय, पांडुरंग. "लोकतत्व संकल्पना आनी स्वरूप". अनन्य [गोवा कोंकणी अकादेमी पणजी गोंय], अंक 15, 2021.